१5/०१/२०२५ @ 6. 30

मोदी 140

भारत विस्तारवादान न्हय तर उदरगतीच्या भावनांनी काम करता हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिलो. उक्तो, सुरक्षीत, समावेशी आनी समृध्द भारत-पॅसिफिक वाठाराक भारतान सदांच आदार दिला अशें तांणी सांगलें. मुंबयच्या नौदल डॉकयार्डत आयएनएस सुरत, आयएनएस नीलगिरी आनी आयएनएस वाघशीर हीं तीन मुखेल नौदल झुजारी जहाजां राष्ट्राक समर्पित केल्या उपरांत ते उलयताले.

भारताच्या दर्या दायजा खातीर, नौदलाचो गौरवशाली इतिहास आनी आत्मनिर्भर भारत अभियाना खातीर आयज एक व्हड दीस अशें नमूद करून प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणलें की, छत्रपती शिवाजी महाराजान भारतीय नौदलाक एक नवीन शक्ती आनी दृष्टीकोन दिला. श्री. पयलेच खेपे विनाशक, फ्रीगेट आनी पाणबुडींचें त्रिकोणी वावर सुरू करपाचें काम सुरू आसा. तिनूय मुखेल प्लॅटफॉर्म भारतांत बांदल्यात हें अभिमानाची गजाल अशें मोदी हांणी भर दिलो आनी सगल्या भागधारकांक परबीं दिली.

फाटल्या दशका सावन भारताच्या सशस्त्र दळान आत्मनिर्भरताय स्वीकारल्याबद्दल प्रधानमंत्र्यान तोखणाय केली. संकश्टाच्या काळांत हेर देशांचेर आदारून रावप उणें करपा खातीर केल्ल्या तोखणायेच्या यत्नांची तांणी कौतुक केले.

मुर्मू 80

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी लश्करी दिसा निमतान लश्करी सैनिक आनी माजी सैनिकांक परबीं दिली. राष्ट्रपतीनी एका संदेशांत राश्ट्रीय सुरक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर लश्करी सैन्याची म्हत्वाची भुमिका उक्तायली. देशाच्या प्रगती आनी समृध्दी खातीर शांततायेचें वातावरण तयार करपाक सैनिकांचें योगदान आसा अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें. लश्करी सैन्याच्या धाडसाचे तांणी कौतुक केले आनी आमच्या शिमेची राखण करतना तांणी सातत्यान असामान्य धैर्य आनी उच्च दर्जाची व्यावसायिकता दाखयल्या अशे म्हळें. मातृभूमिचे सेवेंत तांणी केल्ल्या असंख्य बलिदानांचे राष्ट्र कृतज्ञतेने स्मरण करता अशेंय मुर्मू हांणी म्हळें.

लश्करी दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशांतले धाडसी सैनिक, आदरणीय माजी सैनिक आनी तांच्या कुटुंबांक आपलीं परबीं दिल्यां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी म्हणले की, सरकार वेगवेगळ्या सुदारणां आनी आधुनिकीकरणाचेर लक्ष केंद्रीत करून सशस्त्र दळ आनी तांच्या कुटुंबाच्या कल्याणा खातीर वचनबद्ध आसा.

लश्कर हें देशाचे सुरक्षेचें राखणदार. भारतीय सैन्य हें दृढनिश्चय, व्यावसायिकता आनी समर्पणाचे प्रतीक आनी सैमीक संकश्टां वेळार मानवतावादी मजत दिवपाक तांची भुमिका आसा हाचेर मोदी हांणी भर दिलो.

गिरिराज 85

वस्त्रोद्योग मंत्री गिरिराज सिंह हांणी 'मेक इन इंडिया' उपक्रम हो भारताक स्पर्धात्मक उत्पादन केंद्र म्हणून उदयाक हाडपी एक सिद्ध धोरण म्हणून अधोरेखित केला. जर्मनींतल्या फ्रँकफर्टांतल्या हेमटेक्सिल 2025 हांगा इंडिया मंडपाच्या उक्तावण वेळार सिंग हांणी भारताची उदरगत कथा आनी फाटल्या 10 वर्सांत वाडत वचपी थेट परकीय गुंतवणुकीवर भर दिलो. हेमटेक्स्टिलाच्या निमतान मंत्री गिरिराज हांणी मशीनरी आनी उपकरण निर्माते संघटने कडेनय बसका घेवन भारताच्या कापड क्षेत्रा कडेन आपले संबंद घटमूट करपाचो उलो मारलो. जर्मन उत्पादकांनी भारतांत गुंतवणूक करून यंत्रसामग्री तयार केल्यार दोनूय वटांनी फायद्याचें थारतलें अशें तांणी नदरेक हाडलें.

Shah 145

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह फाल्यां मुंबय, चेन्नय, कोलकाता, बेंगळुरू, हैदराबाद, कोचीन आनी अहमदाबाद विमानतळार 'फास्ट ट्रॅक इमिग्रेशन - ट्रस्टेड ट्रॅव्हलर प्रोग्राम' चे उक्तावण करतले. हाका लागून प्रवाशांक संवसारीक दर्ज्याच्यो इमिग्रेशन सुविधा मेळटल्यो, जाका लागून आंतरराष्ट्रीय प्रवास सुरळीत आनी सुरक्षीत जातलो.

गृह मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण ह्या कार्यावळींत नांव नोंद करपा खातीर अर्जदारांनी आपलो तपशील भरून आनी गरजेचे कागदपत्र ftittp.mha.gov.in पोर्टलाचेर अपलोड करून ऑनलायन नोंदणी पुराय करची पडटली. नोंदणीकृत अर्जदारांचे बायोमेट्रीक डेटा परदेशी प्रादेशिक नोंदणी कार्यालयांत वा विमानतळार पावतकच घेतले.नोंदणीकृत प्रवाशांनी ई-गेटीचेर विमान कंपनीचो बोर्डिंग पास स्कॅन करचो पडटलो आनी मागीर पासपोर्ट स्कॅन करचो पडटलो. आगमन आनी प्रस्थान ह्या दोनूय वेळार प्रवाशांचे बायोमेट्रीक ई-गेटीचेर प्रमाणीत करतले. एकदां हें प्रमाणीकरण यशस्वी जाले उपरांत ई-गेट आपोआप उगडटलें आनी इमिग्रेशन क्लिअरन्स मंजूर जाल्या अशें मानतले.देशभरांतल्या 21 मुखेल विमानतळांचेर एफटीआय-टीटीपी चालीक लायतले. गृहमंत्र्यान फाटल्या वर्सा जूनांत नवी दिल्लींतल्या इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या टर्मिनल-3 वयल्यान फास्ट ट्रॅक इमिग्रेशन ट्रस्टेड ट्रॅव्हलर प्रोग्राम सुरू केल्लो.

जयशंकर 55

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी स्पेनांतल्या दोन दिसांच्या भोंवडेंत राष्ट्रपती पेड्रो सांचेझ हांची भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत जयशंकर हांणी सांगलें की, राष्ट्रपती सांचेझ हांणी भारतांत केल्ल्या यशस्वी भेटीचो उगडास करून दिल्ल्यान दीर्घकालीन भागीदारीची पुष्टी जाली. ताणी स्पेनाच्या राष्ट्रपतींक माद्रिदांत तांच्या चर्चेची माहिती दिली आनी दोनूय देशांच्या द्विपक्षीय अजेंडेचेर जाल्ली प्रगतीची माहिती दिली.

आनी ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी आठ वरा चाळीस मिनटांचेर. नमस्कार